110 VASIHANV

अंदूच्या अर्थसंकल्पांत रेल्वे खातीर विक्रमी तरतूद केल्या आनी अंदू गोंय राज्या खातीर 482 कोटी रुपयांच वाटप जाल्या अशी म्हायती रेल्वे मंत्र अश्विनि वैष्णव हांणी गोंयांतल्या प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना दिली. गोंयांत रेल्वे कडल्यान वट्ट 5696 कोटी रुपयांची गुंतवणूक जातली अशी म्हायती तांणी दिली.रेल्वे ट्रॅक नुतनीकरण, सिग्नलिंग आनी हेर मुळाव्या साधनसुविधां खातीर मिशन मोड तत्वाचेर 1,16,000 कोटी रुपया खर्च करतले अशी म्हायती वैष्णव हांणी दिली.लागसारच्या शारांनी रेल्वे हो मुखेल येरादारीचो मार्ग करप हो आमचो हेत अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.अंदू 200 नवे वंदे भारत गाडयो जोडून 1,020 नवे फ्लायओव्हर बांदतले.नव्या मार्गांचो निर्णय सविस्तर प्रक्रिया उपरांत जातलो, जातूंत सविस्तर प्रकल्प अहवाल, येरादारी अभ्यास आनी वाणिज्य, अर्थ आनी निती आयोग मंत्रालयां कडेन सल्लो घेवप हांचो आस्पाव आसतलो.

RAJASHRI 190

लेखा (अकाऊंटिंग) सुधारणेत सर्वोत्कृष्ट काम केल्याबद्दल दवर्ली-दिकरपाल पंचायतीक 'इन्स्टिट्यूट ऑफ चार्टर्ड अकाऊंटंट ऑफ इंडिया'न 'आयसीएआय'चो सर्वोच्च पुरस्कार दिऊन सन्मान केलो . हो पुरस्कार दवर्लीचे सरपंच साईश ऊर्फ श्याम राजाध्यक्ष आणि सचिव प्रदीप ताम्हणकर हाणी नवी दिल्लीत समारंभात स्वीकारलो . हो पुरस्कार त्यांनी केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हां च्या हस्तकि आणि 'आयसीएआय'चे अध्यक्ष रणजीत कुमार अग्रवाल आणि 'सीपीजीएफएम'ची अध्यक्ष केमिशा सोनी हां च्या उपस्थितीत स्वीकारलो . नवी दिल्लीत यशोभूमी हांगा जागतिक 'फोरम अकाऊंटंट्स' हो कार्यक्रम 'आयसीएआय'न आयोजित केलो. . या कार्यक्रमाक भारतासयात ४२ देशांचे ६ हजार प्रतिनिधी उपस्थित आशिल्ले. हो पुरस्कार स्वीकारताना मन आणि हृदय अभिमानान भरून आय ले, अशे राजाध्यक्ष हाणी म्हणले. 'आयसीएआय'न १६ तज्ज्ञांची समिती नियुक्त केली . या समितीन आमच्या पंचायतीच्या हिशेबाची माहिती मेळ यिल्ली . हो पुरस्कार प्राप्त करपी दवर्ली ही देशातली एकमेव पंचायत आसा हाचो अभिमान दिसता , असे राजाध्यक्ष हाणी म्हणले. देशातली एक प्रगतशील पंचायत करपाचो निर्धार केला आणि , ती यशस्वी करपाचो माझो प्रयत्न आसा अशे ते उलयलें. हाचे खातीर हांव थळाव्या गांवकारांक, सहकारी पंच आनी सरकारचे उपकार मानतां

अशें राजाध्यक्ष हाणी म्हणले. सहकारी पंच आनी थळाव्या लोकांनी म्हजेर विस्वास दवरलो आनी ही जापसालदारकी म्हाका सोंपयली, आनी ती यशस्वी करपाचो हो म्हजो यत्न आसा अशें राजाध्याक्ष सांगलें.

RAJASHRI 140

मुंबईत ओटीएम २०२५ या प्रदर्शनाच्या यशस्वी समारोपा वेळार गोवा पर्यटनान शाश्वत आनी जबाबदार पर्यटनाच्या आपल्या वचनबद्धतेचे प्रभावी प्रदर्शन केले. ह्या कार्यावळींत राज्याची सैमीक सोबीतकाय सांबाळपाचेर भर दिल्लो, तशेंच गिरेस्त दायज आनी पर्यावरणाक अनुकूल पर्यटन हांच्या संकल्पनांचेर भर दिल्लो. गोंय पर्यटन ओटीएम 2025त पुनरुत्पादन पर्यटनाचे संकल्पनेचेर खासा लक्ष केंद्रीत केलें. ही संकल्पना पर्यावरणाक अनुकूल जावन आनी थळाव्या समाजाक आस्पावन घेवन जबाबदार पर्यटनाक चालना दिता. गोंयच्या पर्यटनाचे एक मुखेल आकर्शण म्हळ्यार एकादश तीर्थ सर्किट, तातूंत इतिहासीक म्हत्वाचीं 11 देवळां आसून पर्यटकांक आध्यात्मिक आनी संस्कृतीक अणभव मेळटा. याशिवाय, गोंयच्या दर्यादेगां भायर सोबीतकाय, रंगीत उत्सव, थळावी खाणाची संस्कृताय, आनी टिकावू दर्यादेग अशा पर्यटनाच्या सगळ्या म्हत्वाच्या तासांचेर भर दिलो. गोंयच्या पर्यटन संचालनालयाचे संचालक केदार नायक हांणी सांगलें, ओटीएम 2025 त आमकां मेळिल्ल्या उत्कृश्ट प्रतिसादाक लागून आमकां खोशी जाल्या. ह्या मंचा वरवीं आंतरराश्ट्रीय पर्यटन वेवसायिकां कडेन संवाद सादपाची आनी गोंय शाश्वत आनी पुनरुज्जीवन करपी पर्यटनाचे दिकेन कशें वता तें दाखोवपाची संद आमकां मेळ्ळी.

Rajashri 165

बायलां आनी भुरगी विकास खात्याकडे फाटल्या तीन वर्सां सावन सुमार 4,311 लाडली लक्ष्मीचे अर्ज प्रलंबीत आसात. सरकारान जून 2024 मेरेन प्रलंबीत आशिल्ले अर्ज निकालात काडपाचे उतर दिल्लें, पूण आतां मेरेन तीन लाखांची येणावळ आशिल्ल्या कुटुंबांच्या धुवांच्या लग्नाखातीर लाडली लक्ष्मी येवजण चालीक लयिल्ली. चलयेची पिराय अठरा वर्सां पुराय जातकच सरकार एक लाख रुपया चलयेच्या कुटुंबाक दिता. आदले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार हांणी 2012 वर्सा ही येवजण सुरू केली. धा वर्सां उपरांत 2022 वर्सा भाजपा सरकारान परतून हे येवजणेचे लाभार्थीच्या अटीत बदल केला हे येवजणेचो फायदो आठ लाखां सकयल वर्सुकी उत्पन्न आशिल्ल्या कुटुंबांक दिवपाचे थारायले. चलयो

लग्न जावचे पयलीं हे येवजणे खातीर अर्ज करताल्यो. पूण 2022 वर्सा केल्ल्या बदला प्रमाण लग्न जाल्ल्या चलयांकच हे येवजणे खातीर अर्ज करपाक मेळटा. फाटल्या तीन वर्सांत 4,311 लग्न जाल्ल्या चलयांनी हे येवजणेचो फायदो मेळोवपा खातीर बायलां आनी बाल विकास खात्यांत अर्ज केला, हे येवजणेचे फायदे अजूनय प्रलंबीत आसात फाटल्या 2024 वर्साच्या  पावसाळी अधिवेशना वेळार पावसाळी अधिवेशन सोंपचे पयलीं समितीची बसका घेवन लाडली लक्ष्मीचे मान्यताय मेळोवन दितलों अशी जाप ह्या खात्याच्या मंत्र्यान दिली

आयतारा दनपारां भाटलेंतल्या धनलक्ष्मी सोसायटी फाटल्यान उदकाची  मुखेल वाहिनी  फुटून लाखांनी लिटर उदक वाया गेले आनी जलवाहिनी फुटिल्ल्यान ताली गांवांतल्या उदका पुरवणाचेर परिणाम जालो  आनी थळाव्या लोकांनी स्मार्ट सिटीच्या कामांक लागून  जलवाहिनी फुटली  असो आरोप केला. पूण आमच्या वावराक लागून फुटली  ना अशें इममेजिन पणजी स्मार्ट सिटी डेव्हलपमेंट लिमिटेड कंपनीन सांगलां. आयतारा रातीं ह्या रस्त्याच्या दोनूय वटांनी येरादारी बंद करून  दुरुस्ती कामां खातीर गाडयो हेर मार्गांनी वळयल्यो. एके वटेन उदकाच्या उणावाक लागून लोकांक त्रास जाता  दुसरे वटेन आयच्या चित्रांतल्यान दिसता की  जलवाहिनी फुटून लाखांनी लिटर उदकाचो वाया गेले तडे गंभीरतायेन घेवंक ना.